01.04.2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

- कारापुर सर्वण ग्राम पंचायतीच्या नवीन इमारतीचे उक्तावण
- मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं जाले .
- मंत्रीमंडळ फेरबदलाचेर सुकाणू समितीच्या बसकेत चर्चा जावंक ना, अशी माहिती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिल्या
- स्मार्ट सीटीचीं ९० टक्के कामां पुराय जाल्यांत अशे इमेजीन स्मार्ट सीटीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजित रॉड्रिग्स हांणी म्हळा.
- 6 एप्रीलक भारतीय जनता पार्टीच्या स्थापना दीस नीमतान भाजपान गोंयभर तरेकवार कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती भाजप गोंय प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी दील्या

राजेश 180

दिवचल म्हालातल्या मये मतदार संघातल्या कारापुर सर्वण ग्राम पंचायतीच्या नवीन इमारतीचे उक्तावण मुखेल सोयरें म्हण मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं जाले . त्यांच्या वांगडा मानाचे सोयरे म्हणून मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, कारापूर सर्वण ग्रामपंचायत सरपंच तनवी सावंत आनि जिल्हा पंचायत वांगडी महेश सावंत तशेच हेर मानेस्त हजर आशील्ले. आपल्या गावाची आनि पंचायत वाटाराची नितळसाण राखपा खातीर ग्रामपंचायतीन तशेच ग्रामपंचायतीच्या पंच सदस्यांनी मेहनत करपाची गरज आसा. आपल्या परिसराक निवळ दवरून आपल्या ग्रामपंचायतीक गोंयातली आदर्श पंचायत करपाखातीर पावल उबारपाची गरज आसा आनि अशे जर गोयातल्या दरेका पंचायतीन केले ,तर गोयातल्यो सगळ्यो पंचायती आदर्श पंचायती जावपाक मदत जातलीं अशे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. ग्रामपंचायतीच्या नवीन इमारती खातिर सरकार दरबारी सतत पाठपुरावो करपी आमदार प्रेमेंद्र शेट तशेच नवीन इमारती खातीर जागा दिल्ल्या खतिर अपर्णा देवी राणे हांका तांणी परबी भेटयली .मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हाणीं गोय सरकार रान तशेच मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं ही कारापुर सर्वण पंचायतीचे नवीन इमारत पुराय करपाखातीर केल्या सहकार्याखातीर सरकारचे तशेच मुख्यमंत्र्याचे उपकार मानले .कारापुर सर्वण

पंचायत ही गोयातली एक आदर्श पंचायत करपाखातीर आपुण सदाच सहकार्य करतलो अशे सांगले

गणेश 140

मगोसयत भारतीय जनता पक्षाची युती सेगीत उरतली. मंत्रीमंडळ फेरबदलाचेर सुकाणू समितीच्या बसकेत चर्चा जावंक ना, अशी माहिती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सुकाणू समितीच्या बसके उपरांत दिली. भारतीय जनता पक्षाच्या सुकाणू समितीची बसका आयज पणजेत जाली. प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, आमदार दिगंबर कामत, आदले खासदार विनय तेंडुलकार बसकेक हाजीर आशिल्ले. राज्यांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतली अनधिकृत घरां आनी बांद कामांनी गोंयकारांच्या बांद कामांचोय आस्पाव आसा. देखून सरकारान अनधिकृत बांदकाम मोडपाचो विचारपूर्वक निर्णय घेवचो अशी मागणी मंगळारा भाजपाच्या कोअर समितीच्या वांगड्यांनी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांका केली.

उच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण, सरकारी, कोमुनिदाद आनी रस्त्या लागसारची अनधिकृत बांदकामां मातये भरवण करपाचो निर्णय सरकारान घेतला. हे खातीर संबंदीतांक मुखेलमंत्र्यांनी १५ दिसांचो वेळ दिलां. पूण अशा बांदकामांत स्थलांतरितां सयत गोंयकारांचीय घरां आनी हेर बांदकामां आसा. तांचीं बांदकामां मोडल्यार येवपी वेंचणुकेंत पक्षाक लुकसाण जावंक शकता. ते खातीर सरकारान अशा बांदकामां विशीं विचारपूर्वक निर्णय घेवचो अशी मागणी कोअर समितीच्या वांगड्यांनी मुखेलमंत्र्यांकडेन केली.

गणेश 200

स्मार्ट सीटीचीं ९० टक्के कामां पुराय जाल्यांत. न्यायालयाक सादर केल्ल्या प्रतिज्ञापत्रा प्रमाण रस्त्यांचीं कामां ३१ मार्च मेरेन पुराय जाल्यांत, अशी म्हायती इमेजीन स्मार्ट सीटीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजित रॉड्रिग्स हांणी दिली.सेंट्रल ड्रेनेज (मध्यवर्ती गटार यंत्रणक ) लागून पणजेचो १८ जून रस्तो, आत्माराम बोरकर रस्तो आनी पिसुर्लेकर रस्त्याचें काम स्मार्ट सीटी खाला करपाक मेळचें ना.

सरकाराक हे विशीं कळयलां. स्मार्ट सीटी खाला सुरू आशिल्लीं कामां आनी डेडलायनची म्हायती स्मार्ट सीटीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजित रॉड्रिग्स हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली.एका याचिके प्रकरणांत स्मार्ट सीटी वतीन २७ जानेवारीक प्रतिज्ञापत्र सादर केल्लें. हातूंत कामाच्या डेडलायनचें पालन स्मार्ट सीटी वतीन जालां. सांत इनेज आनी कॅफे भोसले चौकांतल्या रस्त्यांचीं कामां ३१ मार्च मेरेन पुराय करपाची डेडलायन आशिल्ली. ते प्रमाण कामां पुराय जाल्यांत. रंगकाम, सायनेज, बिटामिनचो थर तशेंच कांय बारीक सारीक कामां ३१ मे मेरेन पुराय करतले. पुराय जाल्ल्या रस्त्यांचें क्युरींग जाले बगर कांय कामां पुराय करपाक मेळचीं ना, हाका लागून कळाव जाला. झाडां लावपा वांगडा लँडस्केपिंगचें काम ३१ मे २०२५ मेरेन पुराय करतले. ताड माड हांगचें वडाचें झाड आनी घुमटेक कसलेच तरेचो धोको ना. हो रस्तो २०० मिटर लांब आसा. २०० मिटर मदल्या १२० मिटर रस्त्याचें काम पुराय जालां. रस्त्या सकयल उदक आशिल्ल्यान कामाला कळाव जाता. उदक काडपा खातीर ८० बोर वेल खणल्यात. घाणयाऱ्या उदकाची पायपलायन बरीच खोल आसा. हाका लागून कामाक कळाव जाता, अशें संजित रॉड्रिग्स हांणी सांगलें.

रश्मि 95

मजगती 31 मार्चाक स्मार्ट सीटी प्रकल्पाचे काम करपाची मुजत सोपली तरीकय पणजे स्मार्ट सीटीची कामा पुराय जांवक ना.कामा अर्दीकुटी उरल्यात,जी कामा पुराय जाल्यात ती बाबत दर्जाची आसात,जाल्यार बऱ्याचश्या नवीन बांधकाम करपा जाग्यार नुतनीकरण करून स्मार्ट सीटी वरवी ती कामा केल्यात अशे दीशाभुल स्मार्ट सीटी प्रकल्पा वरवी केल्या असो आरोप काग्रेसीची पणजी ब्लोकाची अध्यक्ष प्रतीभा बोरकार हीणे केला.केद्र सरकारा कडल्यान अमृत मिशना वरवी स्मार्ट सीटीक मेळील्या नीधीचो गैरवापर केला अशेय तीणे म्हणला.आयज बोरकार हांच्या अध्यक्षतायेखाला काग्रेसीच्या शिश्टमंडळान वचुन स्मार्ट सीटी प्रकल्पाचे मुखेली संजीत रोड्रिग्स हांची भेट घेवन स्मार्ट सीटीचे काम बेगोबेग पुराय करचे अशी मागणी करपी निवेदन भेटयला. Byte कॉग्रेस

रश्मि 120

6 एप्रील हो भारतीय जनता पार्टीचो स्थापना दीस.हया नीमतान भाजपान पक्षावतीन गोंयभर तरेकवार कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती भाजप गोंय

प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी दील्या. स्थापना दीसाच्या फांटभुयेर पार्टीचो झेंडो घराचेर लावप,विकसीत भारत हॅशटॅग सेल्फी सर्त,गांव चलो अभियान,बस्ती चलो अभियान,ह्या सारख्यो कार्यावळी जातल्यो.ह्या कार्यावळीत भाजपाचे आमदार,मंत्री ,कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान वाटो घेतले अशी म्हायती दामोदर नायक हांणी दीली.

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखाला आयज पणजे भाजप कार्यालयात गाभो समीतीची ( core comittee) आयज बसका जाली.ह्यावेळार प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, सभापती रमेश तवडकार, भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे,आमदार दीगंबर कामत,आदले राज्यसभा खासदार विनय तेंडुलकार, ॲड नरेंद्र सावयकार, तशेंभाजप फुडारी गोविंद पर्वतकार,सिद्धार्थ कुंकळ्येकार हाजीर आशील्ले. भाजपाचे मेळावे सध्या सुरू आसा. अटल शताब्दी दीसाची कार्यावळ,हे वीशी आयच्या बसकेत चर्चा जाली अशी म्हायती नायक हांणी बसके उपरांत पत्रकारांकडे उलयतना दील्या. Byte दामू

महेश 60
आयज एका खास आनी विस्वासपात्र म्हायतीचेर आदारून प्राथमीक भलायकी केंद्र, शिवोली लागसर मादक पदार्थ विरोधी पंगडन धाड घाली. हातूंत आरोपी सोनू यादव, रावपी उत्तर प्रदेश हाचे कडेन 5,010 ग्राम बेकायदेशीर मादक पदार्थ मेळे जाची किंमत सुमार ५,००,००० आसा. हे संबंदी NDPS कायदो, 1985 च्या) खाला अंजुना पुलीस स्टेशनांत एफआयआर नोंद जाल्या. न्यायालयान आरोपींक 5 दीस पुलीस ताब्यांत दवरला. फुडली चवकशी सुरू आसा.

तापमान 40
पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान33.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 26.4 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 86 % नोंद जाला. राज्यात वातावरण ढगाळ असतले आनी काय वाठरांनी पावस पडू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला
महेश 80
केंद्रिय तटीय शेती संशोधन संस्था, ओल्ड गोवा हांचो ३८ वो स्थापना दिस आज व्हडा उमेदिन मनयलो. ह्या सुवाळयाक मुख्य वन संवर्धक कमल दत्ता हे मुखेल

सोयरे आशिल्ले. तशेंच विज्ञानिक सल्लागार शरद काळे, दोनापावलच्या राष्ट्रीय समुद्र विज्ञन संस्थेचे संचालक प्रा. सुनीलकुमार सिंग, गोवा व्यवस्थापन संस्थेच संचालक प्रा. अजित परुळेकर, नाबार्डच्या गोंय विभागीय कार्यालयाचे जनरल मॅनेजर संदीप धारकर, गोय राज्य जैवविविद्या मंडळाचे सदस्य डा प्रदीप सरमुकादम , गोंय शेती खात्याचे संचालक संदीप फळदेसाय आनी पशुसंवर्धन खात्याचे संचालक डॉ. नितीन नाईक हजीर आशिल्ले

DIP 90

मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत 3 एप्रिलाक राष्ट्रीय ध्रुवीय आनी महासागर संशोधन केंद्राच्या रूप्या महोत्सवी सुवाळ्याचें उक्तावण करतले.ह्या सुवाळ्यात ध्रुवीय आनी महासागरविज्ञान प्रदर्शन, भारतातल्या ध्रुवीय आनी म हासागर संग्रहालयाचो आभासी प्रवास आनी भारताच्या अंटार्क्टिक प्रवासा वयल्या फिलाटेलिक कॅटलॉगचे प्रकाशन कार्यक्रमाचो आस्पाव आसा.